## राष्ट्रीय विज्ञान दीस कार्यक्रम आयोजनाखातीर अर्थीक मदत दिवपाक प्रस्ताव मागयल्या

ता. 31 जानेवारी 2020

गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळान 28 फेब्रुवारी 2021 दिसा "राष्ट्रीय विज्ञान दीस-2021" मनोवपा खातीर विज्ञान आनी तंत्रज्ञान शिक्षण संस्थां आनी विज्ञान आदारीत संघटनांकडल्यान अनुदान मदती खातीर प्रस्तांव मागयल्यात.

विज्ञान दिसा निमतान शाळां, महाविद्यालयां आनी सर्वसामान्य लोकांच्या सहभागान चर्चा, प्रस्नमंजुशा, प्रदर्शनां, व्याख्यानां, रेडिओ-टीव्ही संवाद ह्या सारखे वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजीत करतात.

त्याच प्रमाण 22 डिसेंबराक राष्ट्रीय गणीत दीस पाळपात येता. 22 डिसेंबर 2020 दिसा राष्ट्रीय गणीत दिसानिमतान गणीत संबंदीत प्रस्नमंजुशा, व्याख्यानां आनी सर्तींचे आयोजन करपा खातीरय इत्सुक शाळां आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आदारीत संघटनांकडल्यान प्रस्तांव मागयल्यात.

संबंदीत मंत्रालयाकडल्यान मंजूरी मेळ्ळे उपरांत प्रस्तावांची आर्थिक मदतीखातीर निवड जातली. वांगडी सचिव, गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळ, साळगांव सेमिनारी सामकार, साळगांव-बार्देस 403511 हांगा प्रस्तांव सुपुर्द करपाची निमणी ता. 20 फेब्रुवारी 2020 आसा.

चड म्हायती खातीर इत्सुक शाळां आनी बिगर सरकारी संघटनांनी कार्यक्रमाचे प्रकल्प सोदअधिकारी श्री. संजीव आर. चोडणकर, मो. नं. 9284794220/9960820709 वा संयोजक श्री. फ्रान्सिस्को लुकास, मो. नं. 9850142036 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/92

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA

-

-